Akashwani Panaji regional news 7.25 am 25th April 2026

गणेश 96

सरकारान आयुश ह्या स्वतंत्र खात्याची स्थापना केल्या. हे विशीचो आदेश सर्वसामान्य प्रशासन फाट्यान जारी केला. गोंय सरकारान कामकाज नेम 1987मदी दुरूस्ती करून नवे 58वे खाते तयार केलां. ह्या खात्याखातीर आता स्वतंत्र मंत्री आसतलो. आयुश धोरण तयार करून आयुर्वेद, होमीओपॅथीक वाठाराच्या उदरगतीचो वावर आता ह्या खात्यामार्फत जातलो.धारगळ हांगा केंद्र सरकारमार्फत आयुश हॉस्पिटल स्थापन जालां. हे भायर गोंयांत आयुर्वेदीक तशेच होमिओपथीक म्हाविद्यालयां आसा. भलायकी खात्यात लेगीत आता आयुर्वेदिक दोतोरांची नियुक्ती जावपाक लागल्या. राज्यात जी आयुश हॉस्पिटला आनी डिस्पेन्सरी आसा तांचेर नियंत्रण तशेच प्रशासन आयुश खात्यावरवी जातलें.

**रविंद्र भवन सांखळीं**

सांखळींचे रविंद्र भवन हो दिवचल आनी सत्तरी तालुक्या खातीर कला आनी संस्कृतायेचो पूल थारला. राज्यांतल्या सगळ्या रविंद्र भवनां मदीं सांखळी रवींद्र भवन सगळ्यांत बरे अशें मुखेलमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी सांगलें.रवींद्र भवनांत अतिरिक्त सुविधां खातीरच्या कामाचो बुन्यादि फातर घालपाच्या सुवाळ्यांत ते उलयताले.

**मलेरिया निर्मुलानाचो**

गोंयांत 2022 सावन  मलेरिया ह्या दुयेसाचे प्रमाण शून्य जाला  ताका लागून राज्याक मलेरिया निर्मुलानाचो  दर्जो मेळु येता अशी म्हायती व्हॅक्टर-बोर्न रोग नियंत्रणाचे प्रभारी भलायकी अधिकारी डॉ कल्पना महात्मे हांणी दिली. संवसारीक मलेरिया दिसाच्या कार्यावळीत्त त्यो उलयताल्यो .राज्य अधिकाऱ्यांनी आतां पयलें पावल म्हूण दक्षिण गोंय जिल्ह्याक  मलेरिया निर्मुलानाचो दर्जो दिवपा खातीर अर्ज केला अशीय म्हायती तानी दील्या

67 ganesh

कर्मचारी भरती आयोगातर्फे पुलीस शिपायांच्या 500वेर पदांं सयत 709 पदांं खातीरची पयली सीबीटी परीक्षा 16 मे, 17 मे, 24 मे, 30 मे आनी 31 मे अशें 5 दीस परीक्षा जातली. आयोगान 13 फेब्रुवारी 2026 दिसा पदां खातीर अर्ज मागोवपी जायरात दिल्ली.सगळ्यांंत चड म्हंंजे 709 पदांं खातीरची अंंदूच्या वर्साची ही पयलीच सीबीटी परीक्षा जाता. परीक्षेची थळा तशेच वेळापत्रक उपरान जाहीर जातलें. ॲडमीट कार्ड लेगीत आयोगाच्या संकेतथळाचेर उपलब्ध जातलें.

50 rashmi

गोंय पुलिसांच्या दील्ल्या म्हायतीच्या आदाराचेर हिमाचल प्रदेश पुलिसांनी गौतम खट्टर हाका काल कुल्लु अटक केलो.वास्को एका कार्यावली वेळार सैंट फ्रांसिस झेवियर केल्ल्या अपमानकारक टिप्पण्यांच्या फांटभुयेर गोंय पुलिसाचो crime branchaचो पंगड ताचो सोद घेतालो. गुन्यांव फांट्याचो पंगड ताका ताब्यांत घेवन गोंयांत हाडटलो अशी म्हायती पुलीशेकडल्यान मेळ्ळ्या.

**धावी परीक्षा निकाल**

गोंय शालान्त मंडळान घेतील्लया यत्ता धावेच्या परीक्षेचो निकाला आयतारा 26 एप्रिलाक सांजे 5 वराचेर पर्वरी हांगा शालान्त मंडळाच्या मंथन सभाघरात जाहीर जातलो.

Announcement 40
प्रसार भारतीन दूरदर्शन केंद्र, पणजी हांगा नैमित्तिक पदां खातिर अर्ज मागयल्यात. संपादकीय सहाय्यक, वृत्तवाचक, सीजी ऑपरेटर पदा खातीर इत्सुक उमेदवार ३० एप्रिल मेरेन अर्ज करू शकतात तशेच आकाशवाणी पणजी न्यूज रीडर-कम-ट्रान्सलेटर नैमितिक पदा खातीर तात्पुत्या करारा खातीर अर्ज मागयता. अर्ज करपाक निमणी तारीख 17 मे आसा

**हवामान**

हवामान खात्यान २४ ते २६ एप्रिल ह्या काळान राज्यात वादळी पाऊस, जोगला आणि वराक ३० ते ४० किमी वेगाचो वारो व्हाव्पाचो अजमास उक्तायला.

**sports**

आयज ipl क्रिकेट सर्तीत अरुण जेटली स्टेडियमाचेर दिल्ली कॅपिटल्स आनी पंजाब किंग्स पंगडामदी दनपारां 3:30 वरांचेर मॅच सुरू जातली.